**मुख्य वेंचणूक कार्यालयावतीन गीत रचना, लघुपट, घोशणा आनी EPIC सेल्फी सर्तींचे आयोजन**

ता: ३ जानेवारी २०२२

लोकांमदी वेंचणूक जागृताय निर्माण करपाखातीर आनी 2022 च्या आगामी सार्वत्रिक विधानसभा वेंचणूकेच्या प्रक्रियेत चडांत चड लोकांक सहभागी करून घेवपा खातीर मुख्य वेंचणूक अधिकारी कार्यालयान राज्यातल्या मतदारांखातीर विंगड विंगड सर्तींचे आयोजन केला. गीत रचना, लघुपट, घोशणा आनी EPIC सेल्फी अशा सर्तींचे आयोजन केला.

गीत रचना सर्तीखातीर कोंकणी, हिंदी, इंग्लिश वा मराठी भाशेंत 3-5 मिनटांचे गीत आसपाक जाय. जैतवंतांक अनुक्रमे रु. 7,000/-, रु. 5,000/- आनी रु. 3,000/-.अशी रोख इनामां भेटयतले. गीताची रचना नैतिक मतदान आनी तुमचें मत दियात अशा संकल्पनेचेर आसपाक जाय.

लघुपट सर्त - लघुपट नैतिक मतदान आनी तुमचें मत दियात ह्या संकल्पनेचेर आसपाक जाय आनी 5-10 मिनटां परस चड लांबायेचो आसपाक जायना. जैतवंतांक अनुक्रमे रु. 10,000/-, रु. 7,000/- आनी रु. 5,000/-.अशी रोख इनामां भेटयतले.

घोशणा सर्त- घोशणा मूळ आसपाक जाय आनी 2 ओळींपरस चड आसपाक जायना. घोशणा नैतिक मतदान आनी तुमचें मत दियात अशा संकल्पनेचेर आसपाक जाय. जैतवंतांक अनुक्रमे रु. 5,000/-, रु. 3,000/- आनी रु. 2,000/-.अशी रोख इनामां भेटयतले. ह्या सर्तींच्यो प्रवेशीकां 10 जानेवारी 2022 मेरेन 9765424554 ह्या नंबरावयल्यान व्हॉटसॅप धाडपाक जाय.

एपिक- EPIC सेल्फी सर्तीखातीर सर्तकान ताच्या EPIC कार्डासयत सेल्फी क्लिक करून @ceo.goa Instagram चेर पोस्ट करप, फॉलो करप आनी टॅग करपाक जाय. खाते भौशीक आसपाक जाय आनी 5 जानेवारी 2022 मेरेन रील पोस्ट करपाक जाय. जैतवंतांक अनुक्रमे रु. 10,000/-, रु. 7,000/- आनी रु. 5,000/-.अशी रोख इनामां भेटयतले.

वयल्या सगळ्या सर्तीखातीरच्यो प्रवेशीकां अराजकीय आनी नैतिक मतदान आनी तुमचें मत दियात अशा संकल्पनेचेर आसपाक जाय.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/07

-

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji